18th October 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

मुखेल खबरो

- अस्तंत बंगालांत काल सांजे उत्तर कोलकाताच्या, चोर-बागान दुर्गा पुजा पंडालात जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत, 19 जाणांक मरण आयलें. जाल्यार, 25 जाण जखमी जाल्यात.
- भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान, नेस्ले इंडिया आनी हिंदुस्तान युनि-लिव्हर लिमिटेडाक, उत्पादनांच्या पॅकेजींगचेर, चुकीचे दावे केल्ल्यान, नोटीस जारी केल्या.
- फ्रांसभरांत पुलीस आनी निदर्शकां मदीं झगडीं, लुटमार आनी उजो लावपाच्यो घडणुको सुरु आसात. हातूंत हजारा परस परस चड लोकांक अटक केल्या.
- आशियाई पॅरा गेम्स 2026 आयज, जपानांतल्या आयची-नागोया हांगा सुरू जातल्यो.
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत, भारत आनी वेस्ट इंडीज मदलो निर्णायक टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळ, पावसाक लागून रद्द जालो. खेळामाळ 2 आड 2 बरोबरीचेर सोपली.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा हांगा एकसुरे सुवातेर, वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला.

West Bengal Stamped

अस्तंत बंगालांत काल सांजे उत्तर कोलकाता हांगाच्या, चोर-बागान दुर्गा पुजा पंडालात जाल्ल्या, चेंगराचेंगरीत 19 जाणांक मरण आयलें. जाल्यार, 25 जाण जखमी जाल्यात. ही घडणूक रातच्या 8 वरांचे सुमाराक, 'महा सप्तमी' उत्सवा वेळार घडली. प्रसार माध्यमांनी दिल्ले खबरे प्रमाण, मुसळधार पावस आनी अचानक आयलल्या गर्दीक लागून, मंडपात गोंधळाची स्थिती निर्माण झाली, जातुन चेंगराचेंगरी सारको प्रकार घडलो. अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी, राज्याचे भलायकी मंत्री आनी वरिश्ठ सरकारी अधिकाऱ्यांनी हॉस्पिटलांक भेट दिवन, परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. तशेंच मरण आयल्ल्या दरेका मनशाच्या कुटुंबाक 25 लाख रुपया भरपाय आनी 'ग्रुप डी' श्रेणीतली, सरकारी नोकरी दिवपाची घोशणा मुख्यमंत्र्यानी केल्या.

उपरांत, पत्रकारां कडेन उलयतना मुख्यमंत्र्यानी सांगलें, कि पुलिसांनी दुर्गापुजेचे आयोजक, खाजगी सुरक्षा रक्षक आनी ड्युटीचेर आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यांक चवकशी खातीर ताब्यांत घेतल्यात. कलकत्ता उच्च न्यायालयाच्या विद्यमान न्यायाधीशांच्या फुडारपणा खाला, खाशेलो तपास पंगड, हे घडणुकेची चवकशी करतलो, अशें मुख्यमंत्र्यान जाहीर केलें. मजगती, कोलकाता पोलिसांच्या 'अँटी-राउडी' सेक्शनान घडणुकेच्या सुवातेवेली सीसीटीव्ही फुटेज एकठांय केल्यात. फुटेज तपासतले आनी गर्दी वेवस्थापन करूंक नाशिल्ल्यान, जापसालदार थारल्यार, ताचेर खर कारवाय करतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. मजगतीं, सध्या कोलकातात आशिल्ले केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, हे परिस्थितीचेर नदर दवरुन आसात. मुख्यमंत्री आनी राज्यांतल्या हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यांकडेन संपर्कांत आसात. मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगलें, कि केंद्रीय गृहमंत्र्यांच्या कार्यावळी सयत, सगळयो अधिकृत कार्यावळी हे दुख्खद घडणुकेक लागून फुडें धुकलल्यात. केंद्रीय गृहमंत्र्यांनी सांगला, कि ते आयज हॉस्पिटलांत वाचून जखमींची भेट घेतले.

## President WB Help

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी हेर वरिश्ठ फुडाऱ्यांनी कोलकाता हांगा, चेंगराचेंगरीच्या घटनेत जाल्ल्या जीवितहानी बद्दल खोलायेन दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी ह्या घडणुकेंत मरण आयल्ल्या व्यक्तींच्या नातेवाईकांक, ‘प्रधानमंत्री राष्ट्रीय आदार निधींतल्यान’ दरेकीं 2 लाख रुपया एक्स-ग्रॅशिया दिवपाची घोशणा केल्या. ते भायर जखमी जाल्ल्यांक दरेकीं 50 हजार रुपया मजत दितले.

## FSSAI

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान, नेस्ले इंडिया आनी हिंदुस्तान युनि-लिव्हर लिमिटेड हांकां, तांच्या कांय खाद्य उत्पादनांच्या पॅकेजींगचेर, चुकीचे दावे केल्ल्यान, नोटीस जारी केल्यात. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, अन्न नियंत्रकान सांगलें, कि हिंदुस्तान युनि-लीव्हरान आपल्या हॉर्लिक्स वीमेन प्लस चॉकलेट न्युट्रीशन ड्रिंक आनी हॉर्लिक्स मदर प्लस केसर उत्पादांचेर, संभाव्य चुकीचे दावे केल्यात. तातूंत हाडांक बळगें, जल्माक येतना भलायकेक बरे वजन आनी “साकर जोडली ना” ही संज्ञा वापरपा संबंदीत दावे, आसपावीत आसात. कांय दावे

चुकीचे वा लागू आशिल्ल्या अन्न सुरक्षेच्या नेमांक, विसंगत आशिल्ल्याचें दिसून आयलां, अशें FSSAIन सांगलें. कंपनीक थारायिल्ल्या काळा भितर, आपली जाप सादर करपाक सांगलां. आनीक एका वेगळयाच प्रकरणांत नेस्ले इंडिया संयत, दोन दुग्ध उत्पादकांक तांच्या ने-स्कॅफे रेडी-टू-ड्रिंक कॉफी पेयांच्या लेबलिंग आनी ऑनलायन वर्णना विशीं नोटीस जारी केल्या. नियामकान उत्पादन वर्णनांत आनी तांच्या जाहीर केल्ल्या अन्न वर्गांत, विसंगती आशिल्ल्याचे निदर्शनाक हाडाला.

## Delhi Complaint Portal

दिल्लींतल्या जंतर मंतराचेर आनी दिल्ली भायल्या सुवातींनी, अंदूं जुलय म्हयन्यांत हिंसाचार संबंदीत घडणुकांच्या सगळ्या आंगां विशीं चवकशी करपा खातीर, सर्वोच्च न्यायालयान स्थापन केल्ल्या उचेल्या पावड्यावेल्या, चौकशी समितीन कागाळी आनी प्रतिनिधीत्व सादर करपा खातीर, पोर्टल सुरू केलां. बाधित पुलीस कर्मचाऱ्यां सयत बाधित लोकां खातीर hpec.nic.in हें पोर्टल सुरू केलां.

## France Protest

फ्रांसभरांत जायत्या शारांनी, पुलीस आनी निदर्शकां मदीं हिंसक झगडीं, लुटमार आनी उजो लावपाच्या घडणुको सुरु आसा. ह्या अशांततायेंत, 1 हजार 200 परस चड लोकांक अटक केल्या, जाल्यार सुमार दीडशे पुलीस अधिकारी, जखमी जाल्यात. वाडत वचपी जिणेच्या खर्चा आड, देशभरांतल्या निदर्शनां वेळार, काल हो हिंसाचार सुरू जालो. हो मोर्चा शांततायेन  म्हणून सुरू जाल्लो. मात उपरांत, मास्क घाल्ले पंगडांनी इतिहासीक आनी भौशीक इमारतींनी उजो लायलो, दुकानां लुटली आनी भौशीक मालमत्तेची तोडफोड केली. तोडफोड, उजो लावप आनी लुटमार करप्यांचेर खटलो जावन, तांका ख्यास्त जातली, अशे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी सांगले.

## Asian Para Games

आशियाई पॅरा गेम्स 2026 आयज, जपानांतल्या आयची-नागोया हांगा अधिकृतपणान सुरू जातल्यो. आदल्या आवृत्तींत मेळिल्ल्या पदकांच्या विक्रमी संख्ये परस आनीक बरी कामगिरी करपाचो, भारताचो हेत आसा. कॉन्टिनेंटल खेळां सर्तीचे पांचवे आवृत्तींत, 45 राष्ट्रीय पॅरालिंपिक समित्यांचे, सुमार तीन हजार खेळगडे एकठांय येतले. ह्या म्हयन्याचे 24 तारखे मेरेन खेळ चालू

उरतले आनी 18 खेळां प्रकारांत सर्त जातली. आयज उक्तावण सुवाळो, नागोयाच्या पालोमा मिझुहो स्टेडियमांत WABI: We Are Beautiful Individuals ह्या संकल्पनेचेर जातलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां अडेज वरांचेर, हो सुवाळो सुरू जावपाचो आसा. ह्या सुवाळ्या वेळार पॅरा बॅडमिंटन खेळगडो प्रमोद भगत आनी धावपटू सिमरन शर्मा, भारतीय पंगडाचें ध्वजवाहक म्हणून, फुडारपण करतले.

## Mens's Cricket

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, भारत आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदलो जावपा आशील्लो पांचवो आनी निर्णायक टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळ, बेंगळुरूंतल्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमांत, पावसाक लागून रद्द जालो. निमाणी मॅच रद्द जाल्ल्यान, पांच मॅचींची हि मालिका 2 आड 2 अशी बरोबरीचेर सोंपली आनी दोनूय पंगडांक ट्रॉफी वांटून मेळ्ळी.

## Women's Cricket

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज रायपूरांतल्या, शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत, भारत आनी झिंबाब्वे मजगती, दुसरी टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅच जातली. भारतीय वेळे प्रमाण, सांजे 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

## हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आंध्र प्रदेश, केरळम, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, मध्य प्रदेश, ओडिशा, छत्तीसगड, तेलंगणा आनी लक्षद्वीप हांगाच्या एकसुरे सुवातेर, वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास आसा. मजगतीं, हवामान खात्यान फुडल्या ४ दिसां खातीर दिल्लीत, नितळ हवामानाचो अदमास उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- अस्तंत बंगालांत काल सांजे उत्तर कोलकाताच्या, चोर-बागान दुर्गा पुजा पंडालात जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत, 19 जाणांक मरण आयलें.
- भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान, नेस्ले इंडिया आनी हिंदुस्तान युनि-लिव्हर लिमिटेडाक, उत्पादनांच्या पॅकेजींगचेर, चुकीचे दावे केल्ल्यान, नोटीस जारी केल्या.
- फ्रांसभरांत पुलीस आनी निदर्शकां मदीं झगडीं, लुटमार आनी उजो लावपाच्यो घडणुको सुरु आसात. हातूंत हजारा परस परस चड लोकांक अटक केल्या.
- आशियाई पॅरा गेम्स 2026 आयज, जपानांतल्या आयची-नागोया हांगा सुरू जातल्यो.
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत, भारत आनी वेस्ट इंडीज मदलो निर्णायक टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळ, पावसाक लागून रद्द जालो. खेळामाळ 2 आड 2 बरोबरीचेर सोपली.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा हांगा एकसुरे सुवातेर, वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला.
- इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले,  आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर.